14th July 2026 8.40am

मुखेल खबरो

- भारतान संयुक्त राष्ट्र सुरक्षा मंडळ (UNSC) चो 2028-29 काळाखातीर, अस्थायी सदस्य वेंचपा खातीर, अधिकृतपणान वेंचणूक मोहीम सुरू केल्या.

- व्हिएतनामांत स्पीड बोट अपघातांत, मरण आयिल्ल्या 15 भारतीय पर्यटकांच्यो कुडी मुंबयत हाडल्यो.

- अस्तंत बंगाल दर्यादेगेर बेपत्ता जाल्ली नुस्तेंमारी ट्रॉलर, बंगालच्या खाडींत सापडल्या. ह्या अपघातात णव नुस्तेमारांक मरण आयला जाल्यार, स जाण बेपत्ता आसात.

- होर्मुझ सामुद्रधुनींतल्या इराणी जहाज येरादारीचेर अमेरिका, परतून नाकाबंदी करतली, अशी घोषणा अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी केल्या.

- भारतीय हवामान खात्यान आयज बिहार आनी ओडिशा वाठारांत, घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

- लॉर्ड्सांत जाल्ले मेचीत, भारतीय बायलां क्रिकेट पंगडान इंग्लंडाक 270 धांवड्यांनी हरोवन कसोटी इतिहासांतले, व्हड जैत नोंद केले.

आता पुराय खबरो

UNSC - 110

संयुक्त राष्ट्र सुरक्षा मंडळ (UNSC) चो 2028-29 काळाखातीर, अस्थायी सदस्य वेंचपा खातीर भारतान अधिकृतपणान मोहीम सुरू केल्या. न्यूयॉर्कातल्या संयुक्त राश्ट्रांच्या मुखेल कार्यालयांत, भारताची उमेदवारी जाहीर करतना, विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस जयशंकर हाणी सांगलें, कि सध्या संवसारांत वाडत वचपी संघर्श आनी अस्थिरताय निर्माण जाल्या, जाका लागून संयुक्त राश्ट्रांची भुमिका पयलीं परस चड म्हत्वाची जाल्या. संवसारीक शांतताय, सुरक्षा आनी समतावादी उदरगतीक चालना दिवपा खातीर, भारताचे विचार मांडले. भारताची तांक आनी योगदान हांचेर भर दितना तांणी सांगलें, कि संयुक्त राष्ट्र संघटनेची सुरवात जाले उपरांत, भारतान सुमार 50 शांतताय राखण मिशनांनी, सुमार तीन लाख कर्मचाऱ्यांचें योगदान दिलां आनी सध्या 10 मिशनांनी 4 हजार 300 वयर भारतीय जवान नेमिल्ले आसात.

व्हिएतनाम - 80

व्हिएतनामांतल्या फु क्वॉक जुंव्या लागसार जाल्ल्या बोट अपघातांत मरण आयिल्ल्या 15 भारतीय पर्यटकांच्यो कुडी काल रातीं मुंबयत हाडल्यो. भारतीय राजनितिक अधिकाऱ्यांनी व्हिएतनामी प्रशासनाकडेन समन्वय साधून, कुडी मायदेशात परत हाडपाची प्रक्रिया पुराय केल्या उपरांत, व्हिएतनाम विमान कंपनीच्या विमानांतल्यान तांकां होची मिन्ह शारांतल्यान हाडले. तमिळनाडू, आंध्र प्रदेश आनी केरळ सरकारांक बळी पडील्याच्या कुटुंबांकडेन समन्वय सादून, तांच्या मूळ सुवातेर पावोवपाक सांगलां. व्हिएतनामांतल्या भारतीय दूतावासान अपघाता उपरांत बचावकार्य, वळख पटवप आणि कुडी मायदेशी परत हाडपाखातीर व्हिएतनाम प्रशासनान दिल्ल्या सहकार्या खातीर उपकार मानल्यात.

भारत ट्रॉलर डेड - 130

ह्या म्हयन्याचे सुरवेक अस्तंत बंगाल दर्यादेगेर बेपत्ता जाल्ली एक नुस्तेंमारी ट्रॉलर, बंगालच्या खाडींत उलटून गेल्ल्या परिस्थितीत सापडल्या. ह्या अपघातात णव नुस्तेमारांक मरण आयला जाल्यार, स जाण अजूनय बेपत्ता आसात. हि ट्रॉलर 15 नुस्तेमारां सयत, 2 जुलयाक संकरपूर दर्या बंदरा वयल्यान, भायर सरिल्ली. 5 जुलय सावन ह्या जहाजा कडेन, संपर्क उणो जाल्लो. दर्यादेग राखण, भारतीय नौदल आनी राज्य एजन्सीच्या संयुक्त सोद कारवायेंत, आयतारा बंगालच्या खाडींत ह्या ट्रॉलराचो सोद लागलो. जहाजाच्या कॅबिनांतल्यान मरण आयिल्ल्याची कूड मेळ्ळयां. ह्यो कुडी दक्षिण 24 परगना जिल्हयांतल्या सीतारामपूरांत हाडून, वळखुपा खातीर दवरल्यात. डीएनए जुळोवपा खातीर, कुटुंबां कडल्यान रगताचे नमुने एकठांय केल्यात. राष्ट्राध्यक्ष द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती सीपी राधाकृष्णन आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी हे घडणुकेचेर दुख्ख उक्तायला. प्रधानमंत्र्यांनी मरण आयिल्ल्याच्या कुटुंबाखातीर, प्रधानमंत्री राष्ट्रीय आदार निधींतल्यान दोन लाख रुपया, आनी जखमीं खातीर 50 हजार रुपया सानुग्रह मदत जाहीर केल्या.

डोनाल्ड ट्रम्प- 60

अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी जाहीर केलां, की होर्मुझ सामुद्रधुनींतल्या इराणी जहाज येरादारीचेर अमेरिका, परतून नाकाबंदी करतली आनी दर्यावेल्या सुरक्षेचो खर्च भागोवपा खातीर, रणनिती उदकामार्गांतल्यान वचपी मालाचेर, 20 टक्के शुल्क

लागू करतली. सोशल मीडियाचेर बरयल्ल्या पोस्टांत राष्ट्राध्यक्ष ट्रम्प हांणी सांगलें, ही नाकाबंदी फकत इराणा कडेन वेपार करपी, इराणी तारवांक आनी जहाजांक लागू जातली.

जयशंकर - 70

विदेश विहार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांणी काल न्यूयॉर्कांत संयुक्त राष्ट्र संघटनेचे सरचिटणीस आंतोनियो गुटेरेस हांची भेट घेतली. अस्तंत आशिया, युक्रेन, सुदान ह्या सारक्या संवसारीक घडामोडीं विशीं चर्चा केली, अशें डॉ.जयशंकर हांणी सोशल मिडियाचेर पोस्टांत सांगलां. भारत आनी संयुक्त राश्ट्रां मदल्या सहकार्याचें बळगें तांणी उजवाडायलें. 2028-29 वर्सा खातीर संयुक्त राष्ट्र सुरक्षा मंडळांत, बिगर कायमस्वरूपी सुवात मेळोवपाक भारताच्या मोहिमेक फुडाकार दिवपा खातीर, डॉ.जयशंकर सध्या न्यूयॉर्कांत आसात.

विमान Transport Rule Court - 130

देशातल्या नागरी विमान येरादारी क्षेत्राची रचना आधुनिक करपाच्या उद्देशान तयार केल्या 'भारतीय वायु-यान अधिनियम, २०२४' अंतर्गत केल्ले नियम, दोन सप्तका भितर सादर करपाचे निर्देश सर्वोच्च न्यायालयान केंद्र सरकाराक दिले. एका जनहित याचिकेर सुनावणी करताना, न्यायमूर्ती विक्रम नाथ आणि न्यायमूर्ती संदीप मेहता हांच्या खंडपीठान, केंद्र सरकाराक हे नियम बंद लिफाफ्यात न्यायालयात सादर करपाक सांगले. केंद्र सरकारच्या वकिलांनी खंडपीठाक माहिती दिली की, नियमांचो मसुदो तयार आसा आणि सध्या त्याचे भाषांतर सुरू आसा. सर्वोच्च न्यायालयान या प्रकरणाची मुखावेली सुनावणी ३ ऑगस्टाक निश्चित केल्या. नागरी विमान येरादारी क्षेत्रात पारदर्शकता आणि प्रवाशांचे संरक्षण सुनिश्चित करपी, एक सक्षम आनी स्वतंत्र यंत्रणा आसची, अशी मागणी करपी जनहित याचिकेचेर, सर्वोच्च न्यायालयान हो आदेश दिला. या याचिकेत भारतातल्या खाजगी विमान कंपन्यांकडच्यान आकारपी विमान भाडे आणि अतिरिक्त शुल्क नियंत्रित करपाक, मार्गदर्शक तत्त्वां निश्चित करची, अशी मागणी केल्या.

Bharat tax – 100

भारत टेक्स 2026 हो भारताचो सगळ्यांत व्हड संवसारीक टेक्सस्टायल इवेंट, आयज नवी दिल्लीच्या भारत मंडपमांत सुरू जातलो. ह्या चार दिसांच्या कार्यावळींत टेक्सस्टायल, फॅशन, टिकाऊपण, तंत्रज्ञान, नवोन्मेष, गुंतवणूक आनी आंतरराश्ट्रीय वेपारांत भारताचें वाडत वचपी संवसारीक फुडारपण दाखयतले. अमेरिका, युके, जपान, पोर्तुगाल, स्पेन, न्यूझीलंड, दक्षिण कोरिया, दक्षिण आफ्रिका आनी नेपाळ ह्या 14 देशांतले आंतरराश्ट्रीय प्रदर्शक ह्या कार्यावळींत वांटो घेवपाचे आसात, अशे भारत टेक्स ट्रेड फेडरेशनचे अध्यक्ष नरेन गोयंका हाणी नवी दिल्लींत पत्रकार परिषदेक संबोधीत करतना सांगलें.

(Byte - Narendra Goyanka)

हे कार्यावळींत उत्पादक, निर्यातदार, संवसारीक खरेदीदार, गुंतवणूकदार, धोरण निर्माते, आंतरराश्ट्रीय प्रतिनिधी मंडळ, कारागीर, स्टार्ट-अप आनी तंत्रज्ञान पुरवणदार एकठांय येतले.

बायलां क्रिकेट - 60

काल इंग्लंडा आड, भारतीय बायलां क्रिकेट पंगडान कसोटी इतिहासांतले, एक व्हड जैत नोंद केले. लॉर्ड्सांत जाल्ले बायलांचे कसोटीं मेचीत भारतान यजमानांक, 270 धांवड्यांनी व्हड हार दिवन, मालिका जिखली. 457 धांवड्यांचे लक्ष्य राखून, भारतान निमाण्या दिसा इंग्लंडाक हारयलो. लॉर्ड्सांत कसोटी मॅच जिखपी, पयलो बायलां पंगड जाल्ल्यान, केंद्रीय खेळां मंत्री मनसुख मांडवीया हाणी, भारतीय बायलां क्रिकेट पंगडाक परबीं दिल्यांत.

क्रिकेट - 90

भारतीय दादल्यांचो क्रिकेट पंगड आयज बर्मिंगहॅमांतल्या एज-बॅस्टनांत येजमान इंग्लंडा आड, तीन मॅचींच्या मालिकेचो पयलो वनडे खेळटलो. मॅच 3:30 वराचेर सुरू जातली. दिग्गज खेळगडो विराट कोहली आनी रोहित शर्मा भारतीय पंगडांत परत येवपाचे आसात, जाल्यार फास्ट बॉलिंगचो मुखेल आदार, जसप्रीत बुमराय परतून येता. शुबमन गिलाच्या फुडारपणा खाला आयतारा, कार्डिफांत दुसरी वनडे मॅच जातली जाल्यार, ह्या म्हयन्याच्या 19 तारखेक लॉर्ड्सांत ह्या मालिकेची तिसरी आनी निमाणी मॅच जावपाची आसा.

हॉकी -

भारतीय कनिश्ट बायलां हॉकी पंगड आयज, इंग्लंडांतल्या लिल-शॉल नॅशनल स्पोर्ट्स सेंटरांत, युके भोंवडेचे निमाणे मॅचींत, बेल्जियमा आड खेळटलो.

हवामान - 80

भारतीय हवामान खात्यान आयज बिहार आनी ओडिशा वाठारांत, घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. फाल्यां मेरेन ह्या वाठारांनी, व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. तशेंच ईशान्य भारत, छत्तीसगढ, झारखंड, अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम ह्या वाठारांनी मध्यम ते व्हडा प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. आयज अंदमान आनी निकोबार जुंवे, आंध्र प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, बिहार, झारखंड, सिक्किम, कर्नाटक आनी ओडिशा ह्या वाठारांनी लेगीत वीज आनी वादळी वारें संयत, गडगड मारपाची शक्यताय आसा. तशेंच दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेशात, कांय सुवातानी, उश्णताय ल्हारांचोय अदमास, हवामान खात्यान उक्तायला.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- भारतान संयुक्त राष्ट्र सुरक्षा मंडळ (UNSC) चो 2028-29 काळाखातीर, अस्थायी सदस्य वेंचपा खातीर, अधिकृतपणान वेंचणूक मोहीम सुरू केल्या.

- व्हिएतनामांत स्पीड बोट अपघातांत, मरण आयिल्ल्या 15 भारतीय पर्यटकांच्यो कुडी मुंबयत हाडल्यो.

- अस्तंत बंगाल दर्यादेगेर बेपत्ता जाल्ली नुस्तेंमारी ट्रॉलर, बंगालच्या खाडींत सापडल्या. ह्या अपघातात णव नुस्तेमारांक मरण आयला जाल्यार, स जाण बेपत्ता आसात.

- होर्मुझ सामुद्रधुनींतल्या इराणी जहाज येरादारीचेर अमेरिका, परतून नाकाबंदी करतली, अशी घोषणा अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी केल्या.

- भारतीय हवामान खात्यान आयज बिहार आनी ओडिशा वाठारांत, घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

- लॉर्ड्सांत जाल्ले मेचीत, भारतीय बायलां क्रिकेट पंगडान इंग्लंडाक 270 धांवड्यांनी हरोवन कसोटी इतिहासांतले, व्हड जैत नोंद केले.